PANAJI REGIONAL 24.09.2026 @ 7.25 AM DEVASHRI KAMAT

RASHMI

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे आनी आमदार गोविंद गावडे हांणी आज लोकभवनांत 'सेवा संकल्प अभियान' सुरू केलें. हें अभियान तरणाटे, बायलां, शेतकार आनी कारागीर हांका सक्षम करपाचें उद्देशान सुरू केलां, अशी माहिती मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.

रश्मी

अटल लसीकरण धोरण चालीक लावपी गोंय देशांतलें पयलें राज्य जालां. ह्या धोरणाक लागून गोंयची भलायकी वेवस्था आनीक घटमूट जातली. ते भायर भलायकी सेवा शिक्षणीक संस्थां मेरेन पावोवपी ''स्टेट केअर्स' या उपक्रमाची अंमलबजावणी चालीक लावपी गोंय हें पयलें राज्य अशे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगला. byte:

रश्मी

गुजरातांत जाल्ल्या बाहत्तराव्या राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार सुवाळ्यांत कोंकणी चित्रपट 'मोग आसूं' हाका सर्वोत्कृष्ट कोंकणी चित्रपट पुरस्कार फावो जाला. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांच्या हस्तुकीं चित्रपटाच्या निर्मात्यांनी पुरस्कार स्वीकारलो.

Mahesh

युनायटेड फोरम ऑफ बँक युनियन्सान 28 ते 30 सप्टेंबर 2026 मजगती जाहीर केलो तीन दिसांचो देशव्यापी बँक संप आणि त्याआधी येवपी 26 व 27 सप्टेंबरच्या सुट्टयो लक्षात घेऊन, नागरिकांच्या बँकिंग गरजांची पूर्तता सुनिश्चित करपाक सरकारान फुडाकार घेतला . जनतेच्या बँकिंगविषयक महत्त्वाच्या गरजांर दीर्घकाळ विपरीत परिणाम जावचो न्हय, या खातीर सगळ्यो भौशिक क्षेत्रातली बँको आणि प्रादेशिक ग्रामीण बँको आयतारा 27 सप्टेंबराक सदचे प्रमाण कामकाज करतली.

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन 27 तारखेक सगळ्यो बँक फाटे, कार्यालयां एटीएम-संलग्न शाखा आणि करन्सी चेस्ट पूरायपणान कार्यरत दवरपाक मंजुरी दिल्या.बँक गिरायकांचे हित आणि सोय ही सरकारची सर्वोच्च प्राथमिकता आसा हाचो, पुनरुच्चार विभागान केला . सरकारन आणि बँक व्यवस्थापनांनी कर्मचारी संघटनांक प्रस्तावित संप मुखार धुकल्पाचेआवाहन केला, तसेच अत्यावश्यक बँकिंग सेवा विना आडमेळ सुरू उरतली याची खात्री करपाक आवश्यक उपाय योजनाय केल्यात.

Seva Sankalp –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सां पुराय करतात; हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक यत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आनी सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान ही निष्ठा लोकांची जीण बदलता. आयच्या आमच्या विशेष माळेत, 'पीएम स्वनिधी' योजने वरवी ही संकल्पना प्रत्यक्षात कशी हाडली हाचे एक उदाहरण आम्ही तुमच्या मुखार मांडता.७८ लाखांपरस अधिक पथविक्रेते | १८,००० कोटी रुपयां परस चड रिण वितरण २०२० त सुरू जाल्या 'पीएम स्वनिधी' योजनेन पथविक्रेत्यांक - ज्यांपैकी खुप जाणांचो कसलोच औपचारिक पत-इतिहास नाशिल्लो वा तो अत्यंत मर्यादित आशिल्लो, तो विनातारण खेळत्या भांडवला खातीर रिण उपलब्ध करून दिवन औपचारिक आर्थिक प्रणालीकडे जोडले. तांचो औपचारिक आर्थिक इतिहास घडवप,व्यवसाय वाडोवप आणि उद्योगाचो विस्तार करप या उद्देशान हे model तयार केल्ले. ऑगस्ट २०२६ मेरेन, ७८ लाखांपरस चड विक्रेत्यांनी १९,१७१ कोटी रुपये मूल्याची १.१८ कोटीं परस चड रिणा घेतली . रिण परतफेडीची पद्धत हीच मुळात उद्योगाच्या प्रगतीची एक पायरी थारल्या. जवळपास ३० लाख विक्रेते रिणाच्या दुसऱ्या टप्प्यार आणि ८.५ लाख विक्रेते तिसऱ्या टप्प्यार पावल्यात. हाचे वेल्यान हे दिसता की, यशस्वी परतफेडीन तांका अधिकाधिक खेळते भांडवल मेळोवपाचो मार्ग मेकळो जाता हाचो सकारात्मक परिणाम उत्पन्नाचेरूय दिसून आ यला.

आयएसबी (ISB) च्या एका अभ्यासाप्रमाण २०२३ ते २०२५ या काळात सरासरी वार्षिक व्यावसायिक उत्पन्नात सुमार २०% वाढ झाली. ९५% लाभार्थ्यां खातीर 'स्वनिधी' हे त्यांचे प यलेच बँक रिण आसले. डिजिटल तंत्रज्ञानाचो स्वीकार हो लेगीत  औपचारिक अर्थव्यवस्थे कडे जोड पाचो आनीक  एक मार्ग ठरला. विक्रेत्यांनी ८७५ कोटींपरस अधिक डिजिटल व्यवहार केल्यात आनी मे २०२६ मेरेन तांका ४१२ कोटी रुपयां चो 'कॅशबॅक' मेळला. 'स्वनिधी' योजना विक्रेत्यां क पत-सुविधा, डिजिटल क्षमता आणि विकासाचो मार्ग उपलब्ध करून देऊन त्यांका'मान्यताप्राप्त पथ-उद्योजक' म्हणून घडयता

स्पोर्ट्स

सॉफ्ट टेनिसपटू जय मीना हाणे दादल्यांच्या एकोडी  प्रकारात कांस्यपदक जिंकले आणि सॉफ्ट टेनिसात आशियाई खेळा स्पर्धेत पदक जिंकपी  तो भारताचो पयलो  खेळगडो थारला

वेदर

गोय वेधशाळेन दिल्या माहिती प्रमाण राज्यात मुखावेले काय दिस मध्यम प्रमाणत पावस पडू येता.आज गडगड आनी झग्लावण्या सयत काय सुवातानी वराक 30 ते 40 किमी वेगान वारे एक ते तीन  वरा व्हाव्पाची शक्यताय वेधशाळेन उक्ताय्ला  आनी  हल्दुवी  शित्कावणी जारी  केल्या